॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय १७ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ फाटल्या अध्यायांत दिल्लें वचन । ह्या अध्यायांत जातलें निरुपण । [१]श्रेय आनी [२]प्रेय लक्षण । आयकात आतां आदरान ॥१॥ उजवाड आनी अंधकार । जशे परस्पर वेगळे आकार । भिन्न रूप तें परस्पर । श्रेय–प्रेय तांचे भशेन ॥२॥ प्रेया खातीर जाचें मन धांवता । सुवार्था खातीर जो पिसो जाता । श्रेय तें विवेकरूप आसता । अविवेकरूप आसा प्रेय ॥३॥ श्रेयाचो विशय फकत विद्या । प्रेयाचो तो निखळ [३]अविद्या । प्रेय केन्नाच भुलयना सुज्ञा । आवडना श्रेयाक अज्ञानी ॥४॥ जे मेरेन भांगराची अस्तुरेक ओड । इंद्रियांक विशयाची आवड । विवेक वैराग्याची ना जोड । प्रेयूच गोड ते मेरेन ॥५॥ उदक दुदाची मिसळ । तशीच प्रेय श्रेयाची भेसळ । तरीय उदकांतलें दूद तितलें निवळ । हंस ज्युस्त पियेता ॥६॥ तेच तरेन जे धीर बुद्‌दीमंत । विवेकी आनी भाग्यवंत । श्रेयाक फकत लोलंगत । प्रेयाक तोंड घुंवडायता सर्वदा ॥७॥ तेच पळयात मंदबुद्‌दी । शरीर पशु पुत्र धन मान आदी । योगक्षेमाच्या लागून नादीं । प्रेय साधता एकलें ॥८॥ श्रेय कितें प्रेय कसलें । दोगूय जरी समजले । ग्रहण वेवसायाचेंय तशेंच जालें । स्वावलंबन जरी पुरुशाक ॥९॥ तरीय मेळटकूच दोनूय । निवड करप कुस्तार विशय । मेळोवन मंदबुद्‌दीचेर जय । आलिंगन दिता प्रेय ताका ॥१०॥ प्रेयाक पयसावया, आदरुया श्रेय । पुरुशार्थ तो होच होय । आसलें जरी

१. पुण्य. २. इंद्रियांक प्रीय अशें ऐहीक सूख. ३. अज्ञान.

दूदमिश्रीत [१]तोय । घेता दुदूच हंस जसो ॥११॥ श्रेय आनी प्रेय हीं दोन । जरी तीं पुरुशाचे सुवादीन । असमर्थ करपाक हें विवेचन । विवेकहीण मंदमती ॥१२॥ श्रेय तें आसा कित्यांत । पयलींच जाणपाक जाय निश्चीत । मागीर येतकूच आडखळ मार्गांत । [२]प्रतिकार संपूर्ण मेळटा करपाक ॥१३॥ हांगाच पुरुशार्थ नदरे मुखार । दत्त म्हूण रावता हजर । म्हणून श्रेया खातिरूच झगडें करात । करून निश्चेव बुद्दीचो ॥१४॥ अतर्क्य संवसारचक्राचे फेर । अखंड भ्रमती आठूय प्रहर । आध्यात्मीक, अशे त्रिताप प्रखर । सोंसता दुर्निवार मनीस ॥१५॥ तातूंतल्यान आत्यंतीक दुख्ख कहर । सोंसतकूच जाता जर्जर । निवारणा खातीर सोदता मागीर । साधनां सोंपीं सूखकर ॥१६॥ सोंसपाक कुस्तार हें भवचक्र परिवर्तन । जातलें कशें ताचें निरसन । ते खातीर आसत कसलें साधन । सोदात हें आदरान ॥१७॥ कळटकूच हे बुद्दीक व्हड भाग्यान । जल्मता पुरुशार्थताय थंयच्यान । मागीर तो सोदता उपाय साधनेन । निजसुवार्था वयलो ॥१८॥ [३]अनादि अज्ञान वा माया । [४]शुक्तिरजत मृगजळा भशेन [५]वाया । अध्यासरूप महदंतराया । व्हरपाक जाय [६]लयाक ॥१९॥ सपनांत भांगराचे करे पडटात । यत्नांनी सांठयल्यार खूब मेळटात । वेळार उपेगाक येतलेशे दिसतात । पूण शेणटात जाग येता तेन्ना ॥२०॥ [७]दृश्ट अदृश्ट भोगवासना । आस तान वा कामना । सदांच प्रतिबंधक जाणा । समूळ खणून काडात तांकां पयलीं ॥२१॥ अशक्य दिसपाक सुर्यप्रकाशान । बुद्दी फाटीं सरता थंयच्यान । जंय वेदश्रृतीचें रिगना पावल । तें आपल्या उजवाडान दाखयता गुरू ॥२२॥ काम–क्रोध दोनूय वृत्ती । करपाक दिनात ज्ञानप्राप्ती । श्रवण–मनन समाधी [८]विश्चित्ती । हातोहात करतात त्यो ॥२३॥ दिवो कापराची जातकूच भेट । अशक्य तांची ताटातूट । भेट जायनाच फुडें खीणभरांत । कापूर मिसळटा दिव्यांत ॥२४॥ श्रुती

१. उदक. २. निवारणाचो उपाय. ३. जाचो आरंभ काळ खबर ना असो. ४. मोतयाचे शिंपयेंतलें रुपें. ५. फुकट. ६. नाश. ७. दिसपी. ८. भंग.

स्मृतींक अयोग्य । दुश्कर्मांनी जो लोळटा अखंडीत । आसून ज्ञानी कितें उपेग । योग्य अयोग्य कळना जाका ॥२५॥ तसोच जो सदांच अशांत । मनूय जाचें डळमळीत । चंचल इंद्रियां लहरी चित्त । जायना ज्ञानान परिपूर्ण ॥२६॥ जाच्या मनाक समाधान । जो गुरूपुत्र आचारवान । जाचें निश्चल आत्म [1]अनुसंधान । ज्ञानसंपन्न तो एक ॥२७॥ आसूं संवसार वा [2]मोक्षगामी । वचपाचें जरी निजधामीं । जाता शरीररथ [3]स्वामी । फकत बडबडपी करतलो कितें ॥२८॥ हांगा वाचेक ना थार । अभ्यास एक सर्वसार । रथाचे सुवातेर दवरून शरीर । बसता स्थीर स्वता तो ॥२९॥ ह्या आपल्या शरीर रथाची । आपले बुद्दीक करात सारथी । तातूंत स्वता धनी जावन बसात । सुसेगाद मनान खुशाल ॥३०॥ कठीण अशी [4]रसमार्गराजी । चलपाक मागीर सारथी [5]योजी । मनरुपी लगामान आवरी । धा इंद्रीय रुपांतले घोडे स्वैर ॥३१॥ घोडे जरी धांवले स्वैर । लगाम दवरतलो नियंत्रण तांचेर । ताका सारथ्याचे सुवादीन करून । बसचें तुवें खुशाल ॥३२॥ सारथी कुशळ आनी निपूण । तरूच घोडे चलतले कसून । तेंच मनरुपी लगामाचें नियंत्रण । सुट्टकूच जाता बळहीण ॥३३॥ विवेकबुद्दीचें जंय सारथ्य । मनाचेर ताबो, जाचें एकाग्र चित्त । ताकाच परमपदाचें सूख । हेर थकतात वाटेर ॥३४॥ जाचें सदांच दोट्टी मन । ताका केन्नाच ना समाधान । ना ताका त्या पदाचें अभिगमन । चुकना बदल संवसाराचो ॥३५॥ अशें तें पद परम मोठें । वास्तव्य तरी खंयसर ताचें । जाता निरसन दुबावाचें । प्रगट्टा जेन्ना तें आपसूक ॥३६॥ चलना थंय तर्कवाद । अनुवाद प्रवाद वा संवाद । ईशकृपेनूच लागतली दाद । हेर वाद व्यर्थ थंय ॥३७॥ चलना हुशारी थंय अदमासाची । मती खुंट्टा तर्क काडप्याची । भोळ्या भावाचीच फळटा सिद्धी । हेंच अजाप हांगाचें ॥३८॥ योग्य ज्ञानाक जें कारण । गती भिन्न ती बुद्दीय भिन्न । तो

१. चित्त. २. मोक्षा कडेन वचपी. ३. कूडरुपी जो रथ, ताचो धनी. ४. विशयांच्या जायत्या मार्गांची परंपरा. ५. दवरात.

आगमज्ञय वेगळोच जाण । तो ज्ञानदानी उत्तम ॥३९॥ कूड मोलादीक फुकट चल्ली । धन काम ही दनपारची सावळी । वळखून दुर्घट माया हरिची । लागता चरणांक संतांच्या ॥४०॥ संत भवसागराचें तारूं । तुवें जावचो थंयचो [1]उतारू । तांचे बगर [2]पैलपारू । दाखयतलो कोण आनीक ॥४१॥ विवेक–वैराग्य हांची जोड । बांदतलो तांची जो सांगड । तो जावचो कित्याक फातर जडमूढ । अवघड ना तांकां भवसागर ॥४२॥ स गुणी ऐश्वर्य भगवंताचें । 'वैराग्य' हें पयलें ऐश्वर्य ताचें । आसतले जे व्हड भाग्याचे । मेळना तांचे बगर हेरांक ॥४३॥ योग्य कर्म केले वीण । जायना चित्तशुद्धी निर्माण । चित्तशुद्धी जायनासतना [3]जाण । जायना ज्ञानसंपादन कशेंच ॥४४॥ म्हणून कर्मूच एक जाण । ज्ञानप्राप्तीचें मूळ कारण । नित्यनैमित्तीक कर्म अनुश्ठान । तातुंतूच धुवप मळाचें ॥४५॥ अशा शुद्ध जाल्ल्या चित्तीं । विवेक–वैराग्याची उत्पत्ती । [4]शमदम अशी साधन संपत्ती । विदेहमुक्ती येता हातांत ॥४६॥ फलकाम संकल्प त्यागून । चित्त एकाग्रतायेच्या योगान । अनन्यभावान जो गुरूक शरण । घेता पदरांत ताका सद्‌गुरू ॥४७॥ भायलेपणाची गोडी शुन्य । जो भावीक भक्त अनन्य । ज्ञान मेळोवन जाता बुद्‌दीमान । चलना उपाय आनीक ॥४८॥ मेळटकूच तेंय ज्ञान । अधर्ममार्गाचें करता आचरण । लोक ना परलोक, सकयल ना वयर । हुमकळटा त्रिशंकू भशेन ॥४९॥ जिवाची जी अज्ञानवृत्ती । तीच खरी संवसारप्रवृत्ती । जातकूच आत्मज्ञान प्राप्ती । तीच निवृत्ती संवसाराक ॥५०॥ आत्मज्ञ सदांच अहंभावा विरयत । धर्म अधर्म शुभ अशुभ विरयत । तांकां तें संवसारा अंतर्गत । हीत अहीत जाय कित्याक ॥५१॥ सोंपली देहअहंकारवृत्ती । तत्काळ थंयच आयली निवृत्ती । तीच जिवाची परमात्मस्थिती । खूण ठामपणान बांदची ॥५२॥ प्रवृत्ती कडेन दुस्मान मित्र । निवृत्तीचें आनिकूय

१. प्रवाशी. २. पलतड. ३. वळखात. ४. वेदांती लोकांचीं कामां.

विचित्र । हांवूच हांव पळयतकूच सगल्याक । दुस्मान इश्टपण कसलें थंय ॥५३॥ अशा महासुखा मुखार । देहाचें दुख्ख तें किरकोळ । तेन्ना ऐहीक सुखाक रडटा कोण । मेळटा जेन्ना हें महासूख ॥५४॥ ऐहीक दुख्खाचे दोंगर । कोसळूं दी मागीर तांचेर । तरी तो हालना कुसकूटभर । दोंगर ठाम धिराचो ॥५५॥ भगवंत जाचेर प्रसन्न जाता । ताकाच तो वैराग्य दिता । ताचे कडेनूच विवेकाची सांगड बांदता । दाखयता पलतड भवसागराची ॥५६॥ हारशांत दिसपी मुखा भशेन । स्पश्ट आत्मदर्शनाचे जो रावता इत्शेन । ताका भूंयेर आनी वयर ब्रह्मलोकांत । सुवात ना तिसरी आनीक ॥५७॥ [1]यागींक जातकूच देवता तृप्ती । जातली पितृलोकाची प्राप्ती । मेळटली कर्मफळाची [2]भुक्ती । मेळना तरीय आत्मज्ञान ॥५८॥ गंधर्व–महर्जनस्तपः–सत्य । थंयचें आत्मदर्शन भोव अस्पश्ट । ताचे विशीं जे आत्मदर्शन आसक्त । भूलोक यथोक्त इत्शिता ॥५९॥ हांगा जाता चित्तशुद्धी । हारशा भशेन नितळ बुद्दी । शुद्ध आत्मस्वरूप त्रिशुद्धी । जाता प्रतिबिंबीत तातूंत ॥६०॥ दुसरें स्थान जें ब्रह्मलोक । थंयूय जाता आत्म [3]अवलोक । पूण कश्ट पडटात अनेक । भोव कुस्तार काम तें ॥६१॥ माया वेंटाळटा सोरोपा भशेन । पिळटा आंतकडी पुराय भितरल्यान । कवटाळटा भायलेंय आंग पूर्ण । कोण शकता तिका टाळपाक ॥६२॥ ''शेंकड्यांनी रुपया आसुनूय बोल्सांत । सुस्त बसून तुमी पळयतात । बेगीन ते आतां भायर काडात । ब्रह्म बोल्सांत तुमच्याच'' ॥६३॥ काड म्हणटकूच हात घालून । गृहस्थ काडटा नोटी बोल्सांतल्यान । धा धांच्यो अडेजशें मेजून । आसतात नोटी ते पुडयेंत ॥६४॥ गृहस्थ शरमलो मनांत । कितले अंतर्ज्ञानी म्हाराज । चरणीं मस्तक दवरीत । मागलें आशिर्वचन बाबां कडेन ॥६५॥ बाबांनी त्या वेळार म्हणलें । ''गुठलाय तुजें ब्रह्मगुंडाळें । लोभाचें जाले बगर वाटोळें । ब्रह्म तुका ना

१. यज्ञ करप्याक. २. जेवण. ३. आत्मप्राप्ती.

मेळचें ॥६६॥ पुत्रपशू असलें वित्तार्जन । आसक्तितूच जाचें मन । ताका खंयचें ब्रह्मज्ञान । लोभ द्रव्याचो सुटले बगर ॥६७॥ महा कठीण वित्त मोह । तृष्णावर्त दुख्खाचो [१]डोह । मद मत्सर मकर असह्य । इत्शे विरयत तो तरतलो ॥६८॥ लोभा कडेन ब्रह्माचें अखंड वैर । थंय ध्यानाक ना अवसर । खंयची मुक्ती विरक्ती साचार । आचारभ्रश्ट लोभ्याक ॥६९॥ लोभा कडेन नासता शांती । ना समाधान ना निश्चिंती । एकूच लोभ भरतकूच चित्तीं । वता साधना मातयेंत ॥७०॥ श्रुतीस्मृतीक [२]अविहीत । अशें वर्ज्य जें दुच्छरीत । तातुंतूच जो सदांच आसक्त । चंचल चित्त तो सदांच ॥७१॥ ताका नांव 'विक्षिप्तचित्त' । सदांच दुश्कर्मांत व्यस्त । कायम विशयसुखांत लोळत । पळयना कांयच हीत अहीत ॥७२॥ जावचो कित्याक ब्रह्मविज्ञानसंपन्न । जो नासता फळइत्शेक [३]निर्विण्ण । ते मेरेन फुकट तें ब्रह्मविज्ञान । आत्मसंपन्न नासता तो ॥७३॥ येतकूच कोणूय कितेंय मागपाक । पयलीं अधिकार पळयतात संत । जितली जाची योग्यताय आसत । दितात ते ताका तितलेंच ॥७४॥ जाच्या मनांत रातदीस । देह अभिमान विशयचिंतन । ताका गुरूउपदेशाचो [४]शीण । व्यर्थ लुकसाण दोगांकूय ॥७५॥ चित्तशुद्धी जाले वीण । परमार्थांत रिगपाक पळयता जो आपूण । ज्ञानगर्वाची ती [५]मिरवण । फकत शीण तो खरो ॥७६॥ म्हणून आवडटलें तेंच उलोवचें । पचतलें तितलेंच खावचें । नाजाल्यार फुकटचें अजीर्ण जावपाचें । खबर आसा हें सगल्यांक ॥७७॥ म्हजें भांडार व्हड आसा । दितलों ताका जो जें मागता । पूण गिरायकाची पळोवन योग्यता । मागिरूच ताका दितां हांव ॥७८॥ आयकल्यार हें लक्ष दिवन । जातलें तुमचें कृतकल्याण । हे पवित्र मशिदींत बसून । असत्य केन्ना उलयना हांव'' ॥७९॥ ही संतवाक्य अमृताची न्हंय । भावार्थान बूड मारतकूच थंय । भायर भितरल्यान शुद्धता पुराय ।

१. खोल फोंडकूल. २. अयोग्य. ३. विरक्त. ४. कश्ट. ५. भपको.

वता धुवन मळ सगलो ॥८०॥ असो साईनाथांचो महिमा । सांगूंक गेल्यार पावचीं नात उतरां । अशक्य तांकां दिवप उपमा । शुद्धप्रेमाक वश तो सदांच ॥८१॥ माऊली ती सकलांची । विश्रांती सुसेग घेवंक आशेल्ल्यांची । कल्पवल्ली आश्रितांची । सावळी जी दीनदुबळ्यांची ॥८२॥ संवसाराचेर उदक सोडून । दोंगराच्या घोलींनी मौन धरून । पूर्ण एकांतवास आपणावन । जागरूक जो आपल्या कल्याणांतूच ॥८३॥ आसतात अशे कितलेशेच संत । बाळगून सुवार्थ फकत । नाजाल्यार फकत परमार्थ । उपेग कांयच ना हेरांक तांचो ॥८४॥ तसले न्हय श्रीसाई महंत । नासतनाय सोयरे धायरे आप्त । घरदार वा बायल पूत । रावता सदैव प्रपंचांत ॥८५॥ मागून भिक्षा पांच घरांत । आठूय आदेस झाडा पोंदा रावत । प्रपंच पसारो थंयच मांडीत । शिकयताले वेव्हार सगलो ॥८६॥ निजब्रह्मस्थिती करून साध्य । लोककल्याणा खातीर झिजत । अशे महात्मे संत । आसतात दुर्मीळ जगांत ॥८७॥ धन्य तो देश धन्य तें कूळ । धन्य ते आईबाप निर्मळ । धन्य तिची कूस सोज्वळ । जल्मलें अशें रत्न जंय ॥८८॥ कश्टां बगर परीस मेळ्ळो । पाशाण समजून न्हयकारलो । बरोच तेंप ना कोणेंच वळखलो । शिरडींत ह्या परम भागवताक ॥८९॥ कोयरांत जशें रत्न पडचें । पोरांबाळांच्या हाताक मेळचें । तांणी खेळणें समजून खेळचें । आदळचें माड्डुवचें फातर कशें ॥९०॥ आसूं, अशे तरेन तो ब्रह्माचो भोक्ता । आशिर्वचनान पावलो तृप्तता । तीच गत तुमची आमची समेस्तां । सोडचो रस्तो कठीण तो ॥९१॥ जे मेरेन बाह्य विशयांचें सेवन । उतर श्रवण स्पर्श संवेदन । वास घेवप बाह्य आंगदर्शन । तेन्ना ना संयमन विशय अर्थाक ॥९२॥ जाले बगर इंद्रीय [१]निरोधन । सभावताच आयिल्लें विन्मूखपण । ब्रह्माचें निरिक्षण । वा अशक्य ताचो उपदेश ॥९३॥ आदीं जावचें सर्वैषणाविहीन । मागीर सद्‌गुरूक अनन्यशरण ।

१. प्रतिकार.

असो जो दृढश्रद्धा संपन्न । आत्मविज्ञानाक तो पात्र ॥९४॥ कान नाक हीं पांच ज्ञान इंद्रियां । त्यागतले जेन्ना स्वस्वविशया । मन संकल्प विकल्प स्वता । त्यागतलो निच्छेवान जेन्ना मेरेन ॥९५॥ अशें प्रतिनिवृत्त जेन्ना अंतर । बुद्दीय सांडटली निश्चेव [१]वेपार । तेच ते परमगती साचार । ब्रह्म तें निर्विकार ॥९६॥ बुद्दी जातली निश्चेवशुन्य । चित्तूय जेन्ना पावतलें चैतन्य । तेन्नाच तोच एक, ना ताचे सारको अन्य । आत्म्याक धन्य जाणटलो ॥९७॥ जातकूच विशया कडल्यान विन्मूख । जातलीं इंद्रियां आत्म उन्मूख । तेन्नाच मेळटलें निजसूख । हेर सगलें असूख तें ॥९८॥ जें विशय विकार–[२]प्रश्चन्न । भोव सुक्षीम दिसपाक कठीण आत्मज्ञान । परमानंद प्राप्तीचें साधन । भोव गहन कळपाक ॥९९॥ ब्रह्मदेवपदा पर्यंत । लोकपरलोकांच्या विशयांत विरक्त । तोच एक ब्रह्मपद [३]अभिषिक्त । तो एक मुक्त जाणचो ॥१००॥ चित्ताक विशयसुखा कडल्यान । हळूहळू फाटीं घुंवडावन । आत्मरुपांत स्थीर करून । आत्मज्ञान जोडचें ॥१०१॥ लोकपरलोक फळभोग वैराग्य । हर्ष शोक अशां द्वंद्वांचो त्याग । बुद्दीवंता कडेनूच हो भोग । अध्यात्मयोग तो होच ॥१०२॥ आधिदैवीक आध्यात्मीक [४]आधिभौतिकांत । सकल [५]वडवानल ज्वाळा आदिकांत । तापिल्ल्या संवसाररुपी सागरांत । आसतलो कोण सुखी खंय ॥१०३॥ तातूंतल्यान जावपाक आपलें उद्धरण । जावचें साईप्रसाद संपन्न । चरित्र तांचें आदरान । आयकुचें वाच्चें पळोवचें ॥१०४॥ हें श्रीसाईनाथ चरित्र । घरकान्न पूत सोयऱ्यां सयत । आयकल्यार मेळटलो [६]इहपरत्र । अगाध लिला श्रीसाईंची ॥१०५॥ श्रोते श्रद्धाळू जे भाग्यवान । तेच ह्यो कथा दिवन कान । आयकतले जेन्ना शांत चित्तान । येता शांततायेक शांतताय ॥१०६॥ ह्या

१. निश्चेव करपाचो जो बुद्दीचो वेपार तो. २. विशय-विकार हांणी धांपिल्लें. ३. ब्रह्मपदाचेर जाका अभिशेक जाल्लो आसा असो. ४. ह्या तीन तापांनी. ५. दर्यांतलो उजो. ६. लोकपरलोक.

कथारूप झऱ्याच्या प्रवाहांत । विरगळटा कर्म आनी अकर्मरूप मीठ । आयकतना रिगता दोळ्यांत । रूप [१]साजिरें श्रीसाईंचें ॥१०७॥ चरित्र आयकल्ल्यान पातकांचो नाश । चरित्र आयकल्ल्यान काळाचेरूय [२]कास । चरित्र आयकल्ल्यान परम उल्हास । मेळटलो श्रोत्यांक कश्टां बगर ॥१०८॥ आयकून शुद्ध अंतस्कर्ण । आयकून चुकतलें जल्ममरण । आयकून श्रोत्यांक ब्रह्मपण । फकत [३]ब्रह्मार्पण केल्ल्यान ॥१०९॥ असो हो [४]साईसेवाकाम । सेवकांक सदांच करता [५]निश्काम । आपल्या भक्तांक श्रीसाईराम । दितले सुसेग सर्वदा ॥११०॥ वांट्यावांट्यांनी ह्या ग्रंथाचें वाचन । नातर श्रवण आनी [६]परिशीलन । मनन आनी चिंतन । करात दीसपट्टें श्रोत्यांनो ॥१११॥ ''आनंदो ब्रह्मेति व्यजानात्'' । ही तर तैत्तिरीय श्रुती विख्यात । तेंच तें बाबा सांगीत । [७]श्रुतिनिर्णीत भक्तांक ॥११२॥ ''हुसको करचो न्हय मात लेगीत । सदांच आसचें खुशालभरीत । चिंता करची न्हय उबे जिणेंत'' । उपदेश सदांच बाबांचो ॥११३॥ आसूं, [८]ब्रह्मतत्त्वनिर्धारण । हें ह्या अध्यायाचें धोरण । वतले जे श्रीसाईंक शरण । व्हडें हें तांच्या भवतारणा खातीर ॥११४॥ बऱ्याचें वचन वारंवार । सांगून करचो दुसऱ्यांचेर उपकार । बाबा ताचो करून [९]अनुकार । वागताले ते प्रमाण ॥११५॥ हें योग्य काय [१०]अयुक्तीक । हे मतभेद फकत वैयक्तीक । जातूंत खोस सामान्य लोकांक । तोच हेत ह्या ग्रंथाचो ॥११६॥ हेंच आसा हांगा प्रयोजन । बाबा जाणटाले कार्यकारण । जशें जें ताचें इत्शीत मन । घडपाचें तेंय तशेंच ॥११७॥ गुरूमुखांतल्यो कथा आयकुच्यो । अतर्क्य लिला अणभवच्यो । शक्य तितल्यो याद दवरच्यो । सांगच्यो त्यो हेरांक ॥११८॥ साईंचें हें चरित्र श्रद्धेन । आयकतकूच व्हड आदरान । आयकुप्या सांगप्याचें

१. सोबीत. २. झगडून जैतवंत जावपाची तयारी. ३. हातांतल्यान जें जें कर्म घडटलें ताच्या फळाची आस्त धरिनासतना तें ब्रह्मार्पण केल्ल्यान.

४. साईंचे सेवेची इत्सा. ५. इत्शे विरयत. ६. अभ्यास. ७. जाचो निकाल लायिल्लो आसा अशें. ८. निच्छीत करप. ९. नक्कल. १०. अयोग्य.

दैन्य वचून । पडटा फाटीं वायट सगल्यांचें ॥११९॥ पळोवन बाबांची लिला अलोकीक । कोण कर्मकट्टो जालोना अजापीत । फकत दर्शनानूच जालो शांत । जालो लीन चरणांचेर ॥१२०॥ पवित्र चरित्रां ह्या साईंचीं । शांत चित्तान आयकुपाचीं । संद मेळटकूच अशी सुखाची । कोण फुकटची घालयतलो ॥१२१॥ सोयरींधायरीं पूत इश्ट । कामक्रोधाच्या घुसपून भोवऱ्यांत । [१]नानारोग [२]तिमिंगिलोज्जृंभित । खवळिल्लो आशा कल्लोळान ॥१२२। खिणांत उद्वेगाचो झटको । येवन वता घटकेन घटका । झगडें पेटून उडटा खटको । पूण तोडचे न्हय संबंध ॥१२३॥ स्वताच जिवाक करचो बोध । कीं तूंच आसा ब्रह्म शुद्ध । जाला तूं देहा सांगातान बद्द । [३]उरफाटो लोंबकळपी पोपटा भशेन ॥१२४॥ भुल्ला तूं फकत मोहमायेक । तातूंत विसरला आपले [४]सोयेक । तुजो तूंच जावन [५]सावशीक । यो स्वरुपांत बेगोबेग ॥१२५॥ भ्रमाक लागून वाडलो भ्रम । देह अभिमान असले संभ्रम । मृगजळा भशेन हें ''हांव हांवपण'' । वळखून [६]निर्मम जायना कित्याक ॥१२६॥ ह्या हांव–तूं पणाच्या प्रपंचांत । घुस्पटचें कित्याक नीट चीत । कर विहार मेकळ्या मळबांत । सोड ती नळी हे पोपटा ॥१२७॥ मुक्त थंय आसता बद्दता । बद्दते कडेन आसता मुक्तता । जावन परत उभयदशा । शुद्ध स्वतंत्र राव तूं ॥१२८॥ हें निश्चेवाचें ज्ञान । सूख वा दुख्ख सर्वाज्ञान । सोडून मेळोवन घे विज्ञान । ब्रह्मज्ञान लागींच ॥१२९॥ कुडींत जे मेरेन 'हांव–तूं' पण । ना निजहीत पळोवपी तूं ते मेरेन । पळय स्वताक ताका सोडून । मार काटूकपण भिरकावन ॥१३०॥ कुबेरा भशेन धनवंत । भिक्षे खातीर जरी भटकत । तरी तें फकत नश्टचरीत । विपरीतपण अज्ञानान ॥१३१॥ करचें सदांच सत्य शास्त्र श्रवण । विस्वासान पाळचें सद्गुरू वचन । सदांच सादूर रावून । राखचे योग्य संबंद ॥१३२॥ वागपाची ती रीत पळोवन । करतले लोक

१. मानगें. २. तिमिंगल नांवाचो एक व्हड मासो. ३. नळयेक. ४. अनकुलताय. ५. सादूर. ६. आसक्ती नाशिल्लो.

तिचें अनुकरण । असंख्य जिवांचें जातलें उद्धरण । सोंपेपणान तातूंतल्यान ॥१३३॥ येतली केन्ना अशी घटका । मेळटली संवसार बंधनांतल्यान सुटका । मनाक जाच्या हो दीसरात चटका । सोडटा संबंद तो अनपेक्षीत ॥१३४॥ शक्य तितलो एकांत पळोवन । संवसार निस्सार ही गांठ बांदून । अभ्यास आनी आत्मचिंतन । आसचें अखंड हातुंतूच ॥१३५॥ भक्ती श्रद्धापूर्ण मनान । शिश्यान पूर्ण नम्रपणान । गेले बगर साश्टांग शरण । दिना ज्ञानाचें भांडार श्रीगुरू ॥१३६॥ सर्वस्वी गुरूसेवा करची । [1]बंधमोक्ष वृत्ती स्पश्ट करची । विद्या अविद्या असल्यां प्रस्नांत धरची । दितलो गुरूच सफळटाय ॥१३७॥ आत्मो कोण परमात्मो कोण । कोण सांगूंक शकत गुरू वीण । गुरूय आयले बगर शरण पूर्ण । दिनात कण पसून ज्ञानाचो ॥१३८॥ गुरू बगर हेरांनी दिल्लें ज्ञान । संवसार मुक्ती दिवपी तें जायना पूर्ण । मोक्षफळ दिवपी आसना मात्त पसून । पटना मनाक केन्नाच ॥१३९॥ म्हणून गुरू बगर ना ज्ञान । विद्वानांक हाची पूर्ण जाण । ब्रह्मात्म ऐक्यविषयांत अनुकुलतायेन । समर्थ पांय श्रीगुरूचे ॥१४०॥ करिनासतना थंय [2]अनमान । सोडून गुर्मी अभिमान । जावन अखंड [3]दंडायमान । तेंकयात माथें गुरूचरणांचेर ॥१४१॥ दासांचो दास हांव तुमचो । विस्वास एक तुमच्या चरणांचो । धरून आयलां अशें म्हणपाचो । करपाचो दृढ निश्चेव जिवाचो ॥१४२॥ मागीर पळयात चमत्कार ताचो । गुरू तो सागर दयेचो । हालतलो करून पलंग ल्हारांचो । वयले वयर झेलतलो ॥१४३॥ माथ्यार आशिर्वादाचो हात । दवरून दुख्खां करतलो उद्ध्वस्त । जाळून पातकांच्यो राशी समेस्त । लायता तो उदी कपलाक ॥१४४॥ अशें ब्रह्मार्थ्याक ब्रह्मनिरुपण । हें तर फकत निमीत जाण । जीवशीव ऐक्यतेची खूण । सांगली संपूर्ण भक्तांक ॥१४५॥ आतां म्हाराजांची इतली । अतुल बुद्धी विद्या गाढी । आसतकूच फकांडांची कितें [4]प्रौढी ।

१. बंधमोक्षाच्यो गजाली. २. संकोच. ३. नम्र. ४. बडाय, हांवपण.

कितें आवडी [१]विनोदांची ॥१४६॥ सहज दुबाव घेतलें मन । पूण पळयतकूच विचारून । एकूच आसा समाधान । सावचीतपणान आयकात ॥१४७॥ भुरग्यांबाळां कडेन उलयतना । तांच्या चोंचऱ्या आवाजांत रमतना । बडायेच्यो गजाली केन्ना । जातना तुमी आयकल्यात व्हय ॥१४८॥ तांचेर पोकें प्रेम कित्याक । जीब कशी शकतली तें सांगपाक । मात बोधप्रदान कुशळटायेक । विनोद फकांडां ही एकूच ॥१४९॥ कसलें जालां दुयेंस आपणाक । तें खंय खबर आसता भुरग्याक । दिवचें पडटा वखद आवयक । जरी तें हट्टी पियेना ॥१५०॥ केन्ना मायेन अपुरबायेन । केन्ना दोळे वटारून । केन्ना चौदावें [२]रत्न दाखोवन । केन्ना वेंगावन मोगान ॥१५१॥ तींच जावपाक लागतकूच व्हड । करचेशे दिसता तांचे लाड । पूण बुद्दी खर वा जड । तसोच निर्णय ज्ञानाचो ॥१५२॥ खर बुद्दीचें खर [३]ग्रहण । उपदेश जातकूच लागना खीण । तेंच जडबुद्दीचें [४]विलक्षण । राखप भोव कश्टांचें ॥१५३॥ समर्थ साई ज्ञाननिधी । ज्या भक्ताची जशी बुद्दी । पयलीं निर्धारून पात्रशुद्धी । ज्ञानसमृद्धी वांट्टात ॥१५४॥ तांकां पूर्ण अंतर्ज्ञान । तांकां आदींच सगल्याची जाण । जाका जशें योग्य साधन । ताचें नियमन तशेंच ॥१५५॥ जसो जाचो अधिकार । ताचो आदींच करून विचार । योग्यायोग्यते प्रमाण भार । बाबांचेर भक्तांचो ॥१५६॥ तशेंच आमी दिसपाक थोर । मात त्या सिद्ध साई मुखार । आमी पोरां परसूय पोर । विनोदांत उमळशीक सदांच ॥१५७॥ विनोदांचें बाबा आगर । जंय जंय जांकां आदर । तें तें भरपूर दिवन समग्र । राखतात गोंदळिल्ल्या भक्तांक ॥१५८॥ सुबुद्द जावं बुद्दीमंद । वाचल्यार मेळटलो परमानंद । आयकल्यार लागतलो आयकुपाचो छंद । मनन केल्ल्यान खोस उपाट ॥१५९॥ [५]आवर्तन केल्ल्यान परमार्थबोध । अभ्यासांतल्यान प्रचंड खोस । सौख्य मेळटलें उपाट

१. फकांडां. २. बडयेचो भंय. ३. स्विकार. ४. उरफाटें. ५. एका फाटल्यान एक पारायण.

निर्दोश । अशी ही लिला अगाध ॥१६०॥ भाग्यवंतान ज्या अणभव हांगाचो । थोडो लेगीत घेतिल्लो आसतलो । काया वाचा मनान एकरूप जातलो । अतर्क्य लिला श्रीसाईंची ॥१६१॥ हेमाड साईचरणांचेर शरण । विनोदमार्गान ज्ञान प्रदान । भक्तकल्याण एक येवजण । ब्रह्मार्थी फकत निमताक ॥१६२॥ फुडल्या अध्यायांत आनीकूय गोड । आयकुप्यांचें जातलें [1]कोड । म्हज्या जिवाची ही गुपीत होड । फोड फोडून केली पूर्ण ॥१६३॥ हांव वतलों [2]माधवा कडेन । निरोप बाबांचो सांगतलों वचून । आयकात तुमी पुरायेन । पावलों कसो अनुग्रहाक ॥१६४॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । ब्रह्मज्ञान कथन नांवाचो हो सतरावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. कवतूक. २. माधवराव देशपांडे, हांकां बाबा 'श्यामा' म्हूण उलो मारताले.